०२.१२.२०२५ @ ७.२० pm

- गोंय कॉंग्रेस पक्षान आयज जिल्हो पंचायत वेचणुकेच्या उमेदवारांची आपल्या उमेदवाराची पयली वळेरी जाहिर केला.
- मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सेंट फ्रान्सिस झेवियरांच्या फेस्ता निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या
- मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, सादर करपाची निमणी तारीख ११/१२/२०२५ मेरेन वाड्यल्या
- गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालनालया वतीन 9 ते 11 जानेवारी 2026 मेरेन कांपाल मैदानाचेर अक्का गोवा मेगा फिश महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले.

गोंय कॉंग्रेस पक्षान आयज जिल्हो पंचायत वेचणुके खातीर आपल्या उमेदवाराची पयली वळेरी जाहिर केला. ह्या वळेरीत दिल्लया म्हायती प्रमाण कॉंग्रेसीन उत्तर गोंयातल्या 7 उमेदवारांची जाल्यार दक्षीण गोंयांतल्या 4 उमेदवारांची नावा आय़ज जाहिर केल्या. कार्मेलिना फर्नांडीस साहिल मांद्रेकार सोनल मालवणकार विजु दिवकारशेजल कंलंगुटकार,भानु/दार सन्नायक आयुश केरकार मनिसा उसगावंकर,जुलियो फर्नांडीस एल्केसिन्हो डा सिल्वा, राजेंद्र शिरोडकार ह्या प्रमाण ह्या उमेदवारांची नावा आसा. जिल्हो पंचायतीची वेंचणुक राज्यात 20 जिसेंबराक जातली. ह्या फाटभुयेर सध्या उमेदवारांनी राज्यभर प्रचाराक नेट धरील्याचे चित्र दिश्टी पडटा जाल्यार हे फावट बऱ्याचश्या नव्या मुखा/मळाक राजकीय पक्षांनी जिल्हो पंचायतीचे उमेदवार म्हण संद दिला.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सेंट फ्रान्सिस झेवियरांच्या फेस्ता निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या. राज्यांत सेंट फ्रान्सिस झेवियराचे फेस्त व्हडा भक्तिभावान मनयतात. गोंयकांर आनी संवसारभरांतल्या भाविकांच्या काळजात सेंट फ्रान्सिस झेवियराच्या फेस्ताविशीं खाशेली सुवात आसा. फेस्ता/निमतान जावपी प्रार्थना सभांक फकत गोंयचेच न्हय जाल्यार सबंद भारत आनी संवसारांतलेय भाविक उपस्थित रावतात आनी ताका लागून समाजात एकजूट आनी सलोखो वाडटा. हांव गोंयच्या लोकांक आनी संवसारभरांतल्या भाविकांक फेस्ताची परबीं भेटयता, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणला

20 डिसेंबर 2025 या दीसा जावपी जिल्हा पंचायत वेचणूके खातिर पाळी जिल्हा पंचायत मतदार संघाचे उमेदवार सुंदर नाईक यांच्या प्रचाराचो शुभारंभ आज नावेली साखळी हांगा मुख्यमंत्री डा.प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जालो. या सुवाळयाक नावेलीचे सरपंच रोहिदास कांसेकर, साखळी नगरपालिकेचे उपनगराध्यक्ष दयानंद बोर्येकर, साखळी भाजप गट समितीचे अध्यक्ष रामा नाईक, सचिव कालिदास गावस, सुलक्षणा सावंत हजर आसले.नावेली साखळीच्या श्री महालक्ष्मी देवस्थानात देवीचो आशीर्वाद घेवन प्रचार कार्याचो शुभारंभ करलो . हे वेळार कार्यकर्त्यांक मार्गदर्शन करताना मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं सांगलें की विकसित गोंयचे सपन पुराय करपाखातीर जिल्हो पंचायत ,गोय विधानसभा तशेच केंद्रात भाजपचे सरकार गरजेचें आसा.

सध्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या पुढारपणाखाला विकसीत भारत आणि विकसित गोय चे सपन पुराय जावपाक मदत जाता .येवपी जिल्हा पंचायत वेचणूकेंत भाजपाक प्रचंड मतांनी निवडून दिवपाखातीर कार्यकर्त्यांनी मेहनत घेवपाची गरज आसा अशें मुख्यमंत्र्यांन सांगले.

गोयात मुख्य वेचणूक अधिकारी (सीईओ) कार्यालयान सोमारा जाहीर केले की, दनपारा ४ मेरेन, एकूण ११,६५,३१४ गणना फॉर्म - जे राज्याच्या मतदार वळेरीच्या चालू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (एसआयआर) चो भाग म्हणून सध्याच्या ११,८५,०३४ मतदारांपैकी ९८.३३% आसात - ते एकठाय केलात आणि त्यांचे डिजिटायझेशन केला. मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, सादर करपाची निमणी तारीख ११/१२/२०२५ मेरेन वाड्यल्या . अधिक सोयी खातीर, मतदार त्यांचे गणना फॉर्म voters.eci.gov.in या वेबसाइटर मतदार पोर्टलावरवी ऑनलाइन सादर करू शकतात.

सायबर फटवणुकी खातीर दूरसंचार संसाधनांचो गैरवापर रोखपाक आणि दूरसंचार सायबर सुरक्षा सुनिश्चित करपाक संचार साथी ॲप सुरू केला अशे दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सांगले. संसदे भायर पत्रकारांकडे उलयताना सिंधिया हांणी स्पष्ट केले की, जर कोणाक जाय तर संचार साथी ॲप मोबाईल फोनातल्यान डिलीट करपाक मेळटा आणि ते इन्स्टॉल करचे की ना हे वापरकर्त्यांचेर अवलंबून आसा. गिरायकांक मदत करप आणि त्यांची सुरक्षितता सुनिश्चित करप हे सरकाराचे कर्तव्य आसा असो पुनरुच्चार ताणी केलो. मंत्र्यांनी माहिती दिली की संचार साथीन फटीच्या मोबाइल कनेक्शनाची जोडणी तोडपाक सक्षम केले आणि सुमार २० लाख चोरीक गेल्ले फोन सोदपाक मदत केली ज्यापैकी सुमार ७.५ लाख फोन त्यांच्या मालकांक परत दिले. विरोधकांचेर टीका करताना ते सभागृहाच्या कामकाजात आडमेळ हाडपाचे मुद्दे सोदपाचो प्रयत्न करतात अशे तांणी म्हळे

गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री (जीसीसीआय) हांणी गोवा तंत्रज्ञान असोसिएशनाच्या (जीटीए) सहकार्यान ए.आय फॉर कॅरियर बिल्डिंग ह्या नांवान आद्य कार्यशाळा सुरू करपाची घोशणा केला. आर्टिफिशियल इंटेलिजन्सचे गिन्यान, डिजिटल साधनां, आनी फुडाराक तयार रोजगार कुशळटाय सशक्त करपाचो हेतान ही कार्यशाळा घेवपाचो निर्णय जीसीसीआयन घेतला अशी म्हायती चेंबराची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हीणे दिल्या. दरेका गोंयच्या विद्यार्थ्याक ए.आय कामाच्या फुडाराक कसो आकार दिता तें समजून घेवपा खातीर हो उपक्रम तयार केला. नेटान विकसीत जावपी डिजिटल संवसारांत उद्देगाक तयार जावपाक योग्य मानसिकताय, साधनां दिवन तरणाट्यांक सशक्त करप हो आमचो हेत आसा अशे प्रतिमा धोंड हानी म्हणला.जीसीसीआयची शिक्षण समिती आनी आयटी समिती हांच्या जोडपालवान साकारील्ली ही कार्यशाळा गोंयांतल्या 20-30 म्हाविद्यालयांनी चलतली, तातूंत स्वयंपूर्ण गोंय कार्यावळी खाला वांटो घेवपी संस्थांचो आस्पाव आसतलो. ह्या उपक्रमाक लागून विंगड विंगड शिक्षणीक विशयांतल्या 3,500 ते 4,000 विद्यार्थ्यांक फायदो जातलो अशें अदमास आसा. एआय साधनां, उदपी नोकरी भुमिका, करिअर मार्ग, डिजिटल रुपांतर प्रवृत्ती, आनी संवसारीक पांवड्यार उद्देगांक नवो आकार दिवपी ए.आयच्या क्षेत्रीय उपेगां विशीं हाताळणी प्रशिक्षण हतुत दिताले

गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालनालया वतीन 9 ते 11 जानेवारी 2026 मेरेन कांपाल मैदानाचेर अक्का गोवा मेगा फिश महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले. गोंयचे विद्यार्थ्यी आनी सर्वसामान्य लोकांक नुस्तेंमारी वेवसाया संबंदीत शिक्षणीक आनी तंत्रज्ञानाचो अणभव करून दिवपा खातीर दर वर्सा विशेश पद्दतीन हो महोत्सव आयोजीत करतात. महोत्सवात वेगवेगळ्या जातींचे नुस्तें आनी सागरी जीवांवळींच्या प्रदर्शना सयत विंगड विंगड सर्ती, खाणां-जेवणांचे स्टॉल्स, लोकनाच आनी हेर करमणूक कार्यक्रमांचे आयोजन करतले.

नुस्तेमारी वेवसायिकांक सरकारी येवजण्यों आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनिक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप तशेंच युवकांक ह्या वेवसायाकडेन आकर्शीत करप हो अक्का गोवा मेगा फिश महोत्सवाचो उद्देश आसा. गोंय राज्य नुस्तेंमारी संस्कृती आनी वेवसायाखातीर फामाद आसा लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन महोत्सव यशस्वी करपाक सहकार्य करचे, अशें नुस्तेमारी संचालनालयान मागला.

काशी-तमिळ संगमाची चौथी आवृत्ती आज उत्तर प्रदेशातल्या वाराणसीत सुरू जाता. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान आणि उत्तर प्रदेशचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ संयुक्तपणान या कार्यक्रमाचे उत्तावण केले. हाचो उद्देश उत्तर आणि दक्षिणेतले संबंध घट्ट करप आसा. आज सांजे नमो घाट हांगा भव्य उत्तावण समारंभ जालो. या वर्साच्या कार्यक्रमाचो मथाळो 'चला आमी तमिळ शिकूया वा तमिळ करकलम' आसा. या आयतारा त्यांच्या मन की बात कार्यक्रमात प्रधान मंत्र्यानी म्हणीले की, काशी-तमिळ संगमम हे तमिळ भाषेकडे संलग्न आशिल्या सगळयांक एक महत्त्वाची माची जाल्या

शुक्ल यजुर्वेद मध्यंदिनी शाखेच्या २ हजार मंत्रांनी तयार जाल्ले दंडक/राम पारायण ५० दिसांत कसल्याच आडमेळी शिवाय पूर्ण केल्याबद्दल प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी वेदमूर्ती देवव्रत महेश रेखेचे अभिनंदन केले. सोशल मीडिया पोस्टान मोदीं हाणी म्हणला की, १९ वसांचे वेदमूर्ती देवव्रत महेश रेखेनी जे केले ते येवपी पिळग्यांक याद दितले.

23 वर्सा पिराये सकयले बायलांचे टी-20 ट्रॉफी एलीट सर्तीत गोंय पंगडाक हैदराबादा आड 7 विकेटींनी हार घेवची पडली. गोंयान पयलीं बॅटींग करतना 6 विकेटी व्हगडावन 110 धांवड्यो केल्यो, ताका जाप दितना हैदराबादान 17.5 ओव्हरींनी 3 विकेटी व्हगडावन 114 धांवड्यो करून जैत जोडलें.

मॅच नागपूरच्या लेडी अमृतबाई डागा कॉलेज मैदानाचेर जाली. हर्षिता यादवान 16, उर्वशीन 21, तनिशा गायकवाडान 33, उस्मा खानान 12, अथश्री शिवरकारान 18 धांवड्यो केल्यो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २०.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला